आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा

08.04.2025 /7.20 pm

गोंय उद्देग संचालनालय आनीCII हांच्या जोडपालवान 11 एप्रीलाक पणजेत  वेपारी आनी उद्देजकांची खासा बसका आयोजीत केला

उच्च न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण बेकायदेशीर बांदकामां आड कारवाय जातली देखून सरकारान कारवाय करचे पयलीं संबंदीतांनी बेकायदेशीर रितीन बांदिल्लीं बांदकामां काडून उडोवचीं अ शे  मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी मागला

गोंय उजो पालोवपी आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालय  १४ एप्रीलाक राष्ट्रीय उजो पालोवपी सेवा दीस' मनयतले

राष्ट्रीय नमुनो सर्वेक्षण संघटणा  NSSO च्या 78व्या आनी 79व्या फेरयेच्या निरिक्षणां विशीं चर्चा करपा खातीर आयज आनी फाल्यां गोंय विद्यापिठांत 18वो राष्ट्रीय परिसंवाद सुरू आसा खारफुटीचो एक  खासा अहवाल तयार जातलो अशी म्हायती मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.

रश्मि 110

गोंय उद्देग संचालनालय आनी confideration of indian industry (CII) हांच्या जोडपालवान 11 एप्रीलाक पणजे ताज विवांता होटेलात वेपारी आनी उद्देजकांची खासा बसका आयोजीत केला.गोयांत आशील्ल्या उद्देजकांच्या उत्पादनाक मार्केट मेळचे,तशेच multi national कंपनीक लागपी वस्तुंची  मागणे प्रमाण गोंयच्या कंपन्यानी निर्मीती

जावची,गोयचो उद्देग मळ घटमुट जावचो म्हण ह्या कार्यावळीचे आयोजन केला अशी म्हायती उद्देग खात्याचे सचीव सुनील अंचीपका हांणी दील्या.ते पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत उलयताले. ह्या वेळार CII गोय फाट्याचे उपाध्यक्ष महेंद्र वानी,तशेच गोय उद्देग संचालक आश्वीन हाजीर आशील्ले. ह्या कार्यावळीच्या उक्तावण सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत जाल्यार मानाचे सोयरे म्हण उद्देग मंत्री मावीन गुदीन्हो हाजीर रावतले आनी ह्या फुडे दर म्हयन्यात उद्देजकांची अशी बसका आयोजीत करतले अशी म्हायती अंचीपका हांणी ह्यावेळार दील्या.

गणेश 130

राज्यांतली अनधिकृत बांदकामांक कायदेशीर करपा खातीर नवो अध्यादेश चालीक लावपाचो विचार सुरु आसा. उच्च न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण बेकायदेशीर बांदकामां आड कारवाय जातली. ताका लागून रस्त्यांचेर, म्हामार्गांचेर बेकायदेशीर रितीन बांदिल्लीं बांदकामां लोकांनी स्वताच काडून उडोवचीं अशें आवाहन मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केले. बेकायदेशीर बांदकामा संबंदी उच्च न्यायालयान दिल्ले आदेशा उपरांत मंगळारा मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मंत्री, आमदार तशेंच संबंदीत खात्याच्या अधिकाऱ्यां वांगडा उच्च पांवड्यावेली बसका घेतली. अनधिकृत बांदकामांचें नियमितीकरण करपा सयत बेकायदेशीर बांदकामां विशीं हे बसकेंत चर्चा जाली. बसके उपरांत पत्रकारां कडेन उलयतना मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें,की राज्यांत अनधिकृत बांदकामां नियमित करपा खातीर सरकार यत्न करता. हे खातीर आतां सरकार नवो अध्यादेश जारी करपाचो विचार करता. पूण न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण बेकायदेशीर रितीन बांदिल्लीं बांदकामां मोडून उडोवपाचो निर्णय सरकारान घेतला. देखून सरकारान कारवाय करचे पयलीं संबंदीतांनी रस्त्यांचेर वा म्हामार्गांचेर बेकायदेशीर रितीन बांदिल्लीं बांदकामां काडून उडोवचीं असो सल्लो तांणी दिलो.

राजेश 100

दिवचल नगरपालिकेक उदरगतीचे बाबतीत गोंयातली एक आदर्श नगरपालिका करपाचो आपलो हवेस आसा आणि हे खातिर पालिका वाठारातल्या सगळ्या लोकांनी आनी नागरिकांनी दिवचल पालिकेक सहकार्य करपाक जाय अशे मत दिवचलचे नगराध्यक्ष

विजयकुमार नाटेकर हाणीं उक्तायला. नगराध्यक्ष नाटेकर हाणीं सांगले की नगराध्यक्ष म्हण दिवचल नगरपालिकेच्या सर्वांगीण उदर गतीखातीर आपुण बांदिल आसा. दिवचल नगरपालिका वाटाराचे उदरतीची विंगड विंगड विकासकामां बाबतीत दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेट्ये हांचे आमकां बरे तरेन मार्गदर्शन मेळटा आनि तांकाच लागून उदक ,वीज, रस्ते तशेच हेर मुळाव्यो सुविधा पालिका वाठारातल्या लोकांक दिवन दिवचल नगरपालिकेक गोंयातलीं एक आदर्श नगरपालिका करपाखातीर सगळ्या नागरिकांनी पालिकेक सहकार्य करपाक जाय अशे नगराध्यक्ष नाटेकर हाणीं मुखार सांगले.

सुभाष 100

गोंय उजो पालोवपी आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालय सोमारा १४ एप्रीलाक राष्ट्रीय उजो पालोवपी सेवा दीस' मनयतले, उपरांत १४ ते २० एप्रील मेरेन 'उजो पालोवपी सुरक्षीतताय सप्तक' मनयतले. ह्या वर्सुकी कार्यावळींत सेवा दितना मरण आयील्या जवानांक श्रद्धांजली ओपतले. उजो पालोवपाचे कामां वेळार सुरक्षेविशी जागृताय आनी प्रतिबंधात्मक उपायांचेर हया कार्यावळींत भर दितात. १९४४ वर्सा जाल्ल्या मुंबय गोदी स्फोटा उपरांत राश्ट्रीय उजो पालोवपी सेवा दीस मनवपाक सुरुवात जाली. उजो पालोवपी सर्त, उजो पालोवपाची जागृताय मोहीम, उजो पालोवपाची आनी इलॅक्ट्रॉनीक माध्यमांतल्यान आपत्ती आडावपाची निर्देश, शहीद उजो पालोवपी दळाच्या जवानांक श्रद्धांजली, प्रस्नमाची सर्त, रगतदान शिबिर, गोवा फायर रन २०२५ अशे वेगवेगळे उपक्रम उजो पालोवपी सुरक्षेच्या सप्तकांत आयोजीत जातले.

महेश 160

राष्ट्रीय नमुनो सर्वेक्षण संघटणा NSSO च्या 78व्या आनी 79व्या फेरयेच्या निरिक्षणां विशीं चर्चा करपा खातीर आयज आनी फाल्यां गोंय विद्यापिठांत 18वो राष्ट्रीय परिसंवाद सुरू आसा. राश्ट्रीय सांख्यिकी कार्यालय NSO सांख्यिकी आनी कार्यावळ अंमलबजावणी मंत्रालय MOSPI आनी गोंय विद्यापीठ, हाणी आयोजीत केलां. NSSO अंदू 75 वर्सां पुराय करता. भारताचे धोरणात्मक निर्णय आनी रणनिती तयार करपाक हो एक मुखेल घटक. NSS हें सांख्यिकी पद्दतींतलें एक जागतीक मॉडेल

ह्या वेळार उलयतना NSS  चे महासंचालक गीत सिंग राठोड हांणी म्हणलें,की  “आमी नव्या तंत्रज्ञानाक वेंगायला , आमच्या सर्वेक्षणांची  व्याप्ती वाडयला, आनी अचूकता, विस्वास पात्रताय आनी वेळार अंतर्दृष्टी सुनिश्चीत करपा खातीर आमच्या पद्दतींत सुदारणा केल्या आशे ताणी सांगले BYTE राठोर

ह्या वेळार उलयतना गोंय विद्यापिठाचे कुलगुरू प्रो. हरीलाल मेनन हाणी उपग्रह डेटाचो प्रभावीपणान कसो उपेग करून नुस्तेंमारी वाडोवपा खातीर संभाव्य नुस्तेमारी वाठार वळखुपाक मेळटा तें सोदून काडपाचो विद्यापिठ यत्न करता अशें हांणी सांगलें. गोंयची 25% लोकसंख्या नुस्तेमारी क्षेत्राचेर आदारून आसा. गोवा विद्यापीठ बेगीनूच एक ॲप तयार करतले, जाका लागून नुस्तेमारांक चडांत चड नुस्तेंमारी खंय मेळूं येता तें थारावपाक मदत जातली. BYTE menon

रश्मि 90

गोंयांत आशील्ल्ली खारफुटी  वाटावपाखातीर पर्यावरण खात्यान कडक पावला उबारल्यात. खारफुटी म्हणल्यारूच mangrooves पर्यावरण  आनी दर्यादिग घटमुट दवरपाक मजत करतात. रान खात्याक, पी सी सी एफ खाला, राज्यभरांतल्या सुमार 3,500 मॅंग्रोव संबंदीत सर्वेक्षण क्रमांकांचें सविस्तर सर्वेक्षण करून तांकां संरक्षित वाठार म्हणून आरक्षित करपाक आपणे आदेश दीला अशी म्हायती रान खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या. ह्या सर्वेक्षणावरवी खारफुटीचो एक  खासा अहवाल तयार जातलो अशी म्हायती मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.तशेंच खारफुटी आशील्ल्या वाठारांनी खंयचीय अतिक्रमण वा अनधिकृत बांदकामा सोंसुन घेवचे ना .अशे करप्यांचेर खर कारवाय जातली अशी शीटकावणी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.

राजेश 65

गोयचे पंढरपूर म्हणून फामाद आशिल्ल्या विठ्ठलापूर साखळी  हांगा श्री विठ्ठल मंदिरात चैत्र उत्सवा  निमतान स दीस देवळात विंगड विंगड  धार्मिक तशेच सांस्कृतिक कार्यावळींचे

आयोजन केला. चैत्र उत्सवाच्या निमित्तान विठ्ठलापुर साखळेच्या श्री विठ्ठल मंदिरात सकाळी धार्मिक विधी ,पूजा पाठ ,तीर्थप्रसाद, कीर्तन प्रवचन यासारख्यो कार्यावळी आयोजित केल्यात. आयतार दीस फांतोडेर पाच वरांचेर गोयचो फामाद पारंपरिक वीरभद्र सुवाळो जातलो .उपरांत राणे परिवारा वतीन आनी मानकरांच्या वतीन रथोत्सव जाले उप्रांत चैत्रोत्सवाची सांगता जातली.

DIP 80

दक्षीण गोंय जिल्हा न्यायदंडाधिकाऱ्यान रस्त्या कुशीक वा हेर भौशीक जाग्यांचेर उडलया वा सोडून दिल्ल्या वाहनांच्या मालकांक वाहना विशीं कसलेय आपले दावे आसल्यार ते पुराव्यां सयत उपजिल्हाधिकारी, मडगांव साश्ट आनी उपजिल्हाधिकारी, मुरगांव हांच्या कचेरींत 6 म्हयन्यांच्या काळाभितर सादर करपाची नोटिस दिल्या. जर दिल्ल्या मुजतीत आक्षेप/दावे आयले नात जाल्यार सरकार वाहनां जप्त करतले आनी अशां वाहनांची भौशीक पावणी करून विल्हो लायतले. उपरांत आयिल्ले कसलेच दावे स्विकारचे नात. नोंद केल्ल्या अशां वाहनांची वळेरी उपजिल्हाधिकारी, मडगांव साश्ट आनी उपजिल्हाधिकारी, मुरगांव हांच्या कचेरींत उपलब्ध आसा.

DIP 100

राज्यांतल्या शेतकी क्षेत्राचे अर्थवेवस्थेक म्हत्वाचें योगदान आसा. हाका लागून रोजगार, येणावळ मेळटा आनी अर्थीक उदरगतीक चालना मेळटा, खास करून गांवगिऱ्या वाठारांनी अशें धर्मंदोराचे तरणाटे पुरोगामी शेतकार वरद समंत हांणी सांगलें. मुख्यमंत्र्याच्या निर्देशा प्रमाण स्वयंपूर्ण गोंय कार्यावळी खाला तालुका नोडल अधिकारी आनी स्वयंपूर्ण मित्र हांणी वरद सामंत हांच्या शेतांक भेट दिवन सामंत हाणी आपल्या शेतांत वापरिल्ल्या शेती पद्दतींचो आनी तंत्रगिन्यानाचो अभ्यास केलो. हाका लागून हेर शेतकारांक म्हायती आनी गिन्यान पावोवपाक मदत जातली, जाका लागून तांकां शेतवडी वाडोवपाचे प्रभावी मार्ग आपणावंक मेळटले आनी राज्यांत शेतकी चालना मेळटली. हो तरणाटो वरद सामंत आपल्या कोबीच्या शेतांत अग्रणी आसा. वाणिज्य पदवीधर वरद गाजर, टोमॅटो, भिंडी, खरबूज हांचीय लागवड करता. ताची भाजी ९०% सेंद्रीय आसता.

हवामान 50

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान34. 3डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24 डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता 79 % नोंद जाला. राज्यात फुडले चार हवामान वताळ आसले तरिय काय सुवतिनि आनी काय दुर्गम वाठरांनी दमट उष्ण तापमान आसू येता आनी गड गड मारून पावस पडू येता. वारे वराक 45 ते 50 किलोमीटर वेगान व्हावटले देखून 11 तारीख म्हणसर नुसतेमारनी खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशी शिटकावणी वेधशाळेन दिल्या